# भुरग्यांच्या मनात शिवाजी महाराजांचे गुण आनी विचार रूजोवपाची गरज आसा- मुख्यमंत्री

ता. 19 फेब्रुवारी 2022

म्हान मराठा योद्धा छत्रपती शिवाजी महाराज हांचे गुण आनी विचार भुरग्यांच्या मनात रूजोवपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज फार्मागुडी-फोंडा हांगा माहिती आनी प्रसिद्धी खात्यान आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळ्यात उलयताना सांगलें.

सुवाळ्याक मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, माहिती आनी प्रसिद्धी सचीव श्री रवी धवन, माहिती आनी प्रसिद्धी संचालक श्री दीपक बांदेकर, हिंगोली महाराष्ट्र हांगाचे इतिहासकार डॉ. रामभाऊ राजाराम मुटकुळे आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्ले.

शिवाजी महाराजांच्या ३९२ व्या जयंतीनिमतान मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या लोकांक परबीं दिली. दर वर्सा राज्य सरकार शिवाजी महाराज जयंती राज्यांत मोठ्या उत्साहान मनयता. गोंयासयत देशांतल्या हेर वांठारांनी तशेंच विदेशानीय शिवाजी महाराज जयंती मनयतात. छत्रपती शिवाजी महाराज एक उत्कृश्ट कुशळ प्रशासक आशिल्ले. तांणी प्रजेच्या कल्याणाखातीर काम केले. हिंदू संस्कृतीचे जतन करपाखातीर शिवाजी महाराजांन महत्त्वपूर्ण आनी निर्णायक भूमिका बजावली, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या राज्य पांवड्यावयल्या सुवाळ्याक उपस्थित रावपाक परवानगी दिल्याबद्दल मुख्यमंत्र्यांन भारतीय वेंचणूक आयोगाचे आभार मानले. तशेंच माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर प्रस्नमंजूषा आनी नाट्यप्रवेश सर्त आयोजीत केल्लेखातीर खात्याची तोखणाय केली.

मुख्य सचीव श्री पुनित कुमार गोयल हांणी आपल्या उलोवपात म्हणले, ह्या दिसा लोक म्हान मराठा योद्धा छत्रपती शिवाजी महाराज हांच्या महत्त्वपूर्ण

योगदानाचो उगडास  करून तांकां आर्गां ओपतात. मराठा साम्राजाचो समृद्ध आनी विशिश्ट सांस्कृतीक वारशाचोय संगम ह्या दिसा पळोवक मेळटा. शिवाजी महाराजांन शत्रूंआड लडटना दाखयलेल्या शौर्याचे आनी बुद्धीचेय लोक स्मरण करतात.  आयच्या ह्या आधुनिक युगात शिवाजी महाराजांचो एक तरी गुण लोकांच्या आनी खास करून  तरणाट्यांच्या मनात रूजोवपाची गरज आसा,  जेणे करून मानवी प्रयत्नांच्या बाबतीत सुसंस्कृत समाज घडोवपाक मदत जातली, अशें तांणी म्हणले.

सुवाळ्याचे मुखेल उलोवपी डॉ. रामभाऊ राजाराम मुटकुळे हांणी छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर आनी कार्याचेर उलवप केले.

बालभवन केंद्रांच्या कर्मचाऱ्यांनी येवकार गीत सादर केले.

पत्रकार आनी राज्य पांवड्यावयल्या समितीचे वांगडी नरेंद्र तारी हांणी मुखेल वक्त्यांची वळख करून दिली.

माहिती आनी प्रसिद्धी संचालक दीपक बांदेकर मानेस्तांक येवकार दिलो.

माहिती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांणी उपकार मानले.

सुरवातीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुख्य सचीव पुनीत कुमार गोयल, माहिती आनी प्रसिद्धी श्री. रवी धवन आनी हेर मानेस्तांनी छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याक फुलांहार घातले. उपरांत जगदंबा ढोल ताशा पथक आनी दादा वैद्य हायस्कूलाच्या विद्यार्थ्यांचो कार्यक्रम जालो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/121

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji